१६-०२-२०२६

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

इंडिया-एआय इम्पॅक्ट शिखर परिशद आयजसावन नवी दिल्लीतल्या भारत मंडपमात सुरू जातली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकी प्रदर्शनाचे उक्तावण जातले.

सुरक्षा आव्हानांक फुडो करपाखातीर भारतान सदाच तयार रावपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.

वेचणूक आयोगान अस्तंत बंगालातल्या सात सहाय्यक वेचणूक नोंदणी अधिका-यांचेर अनियमिततेच्या आरोपावेल्यान शिस्तभंगाची कारवाय करपाचे आदेश दिल्यात.

गुजरात विधानसभेचे अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयजसावन गांधीनगरात राज्यपाल आचार्य देवव्रत हांच्या औपचारिक अभिभाषणान सुरू जातले.

दादल्यांच्या आयसीसी टी-२० क्रिकेट वस्तादपण सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात भारतान पाकिस्तान पंगडाक ६१ धावंड्यानी हारोवन सुपर 8 फेरीयेत सुवात मेळयली.

भारत-एआय इम्पॅक्ट शिखर परिशद - १४०

भारत-एआय इम्पॅक्ट शिखर परिशद आयजसावन नवी दिल्लीतल्या भारत मंडपमात सुरू जातली. ती पाच दिस चलतली. ही परिषद विकसनशील देशात जावपी पयली संवसारीक एआय शिखर परिषद आसा. हे कार्यावळीत वीस देशांचे संवसारीक फुडारी वाटेकार जातले. तातूंत फ्रान्सचे राश्ट्राध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन, ब्राझीलचे राश्ट्राध्यक्ष लुईझ इनासियो लुला दा सिल्वा, स्पेनचे राश्ट्राध्यक्ष पेड्रो सांचेझ पेरेझ-कास्टेजॉन, स्वित्झर्लंडचे राश्ट्राध्यक्ष गाय पार्मेलिन, नेदरलँड्सचे प्रधानमंत्री डिक शूफ, यूएईचे युवराज शेख खालिद बिन मोहम्मद बिन झायेद अल नाह्यान, मॉरिशसचे प्रधानमंत्री नवीनचंद्र रामगुलाम, श्रीलंकेचे राश्ट्रपती अनुर कुमार दिसानायके, सेशेल्सचे उपराश्ट्रपती सेबॅस्टियन पिल्ले आनी भूतानचे प्रधानमंत्री त्शेरिंग तोबगे हांचो आस्पाव आसा. बोलिव्हिया, क्रोएशिया, एस्टोनिया, फिनलंड, ग्रीस, गयाना, कझाकस्तान, लिकटेंस्टीन, सर्बिया आनी स्लोवाकियाचे फुडारी लेगित हे परिशदेत वाटेकार जातले, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान सांगला. ४५ परस चड देशांचे मंत्रीपावंड्यावेली शिष्टमंडळा लेगित हे शिखर परिषदेत वाटेकार जातली. जोड राष्ट्रांचे महासचिव आनी खूपश्या आंतरराष्ट्रीय संघटनांचे वरिश्ट अधिकारी लेगित ह्या चर्चेत वाटेकार जातले.

प्रधानमंत्री

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लीत इंडिया एआय इम्पॅक्ट प्रदर्शनाचे उक्तावण करतले. इंडिया एआय इम्पॅक्ट शिखर परिशदेच्या जोड पालवान ह्या पाच दिसांच्या प्रदर्शनाचे आयोजन केला. ऑस्ट्रेलिया, जपान, रशिया, यूके, फ्रान्स, जर्मनी, इटली, नेदरलँड्स, स्वित्झर्लंड, सर्बिया, एस्टोनिया, ताजिकिस्तान आनी आफ्रिका हांच्यासयत १३ देशांचे मंडप आसतले.

ह्या प्रदर्शनात वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी आर्टिफिशियल इंटेलिजेंसच्या परिवर्तनकारी प्रभावाचेर उजवाड घालपी आनी फुडारातल्या कृतींचेर चर्चा घडोवन हाडपी ५०० परस चड सत्रा आसतली. इंडिया एआय इम्पॅक्ट प्रदर्शनात आंतरराष्ट्रीय प्रतिनिधींसयत २ लाख५० हजारांपरस चड जाण येवपाची आस्त आसा.

पी एम सुरक्षा -

सुरक्षा आव्हानांक फुडो करपाखातीर भारतान सदाच तयार रावपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.ऑपरेशन सिंदूर वेळार दसकभराच्या संरक्षण सुधारणांचे लाव स्पष्टपणान दिसून आयले अशें तांणी एका खबरासंस्थेक दिल्ल्या मुलाखतीत म्हळा. संवसारात व्हडा प्रमाणात महत्त्वाची भूमिका वठोवपी भारताचे सध्याच्या परिस्थितीप्रमाण संरक्षण क्षेत्राचे आधुनिकीकरण करपाचे कर्तव्य हेवेळार तांणी उलोवन दाखयले. ह्यावर्साच्या केंद्रीय अर्थसंकल्पात संरक्षण क्षेत्राखातीर ७ लाख ८५ हजार कोटी रुपयांची तरतूद केल्या अशेंय तांणी सांगले. ही तरतूद फाटल्या अर्थसंकल्पापरस १५ टक्के चड आसा. खंयच्याय मंत्रालयाक वा विभागाक दिल्ले हे आतामेरेनचे सगळ्यात व्हड मोल आसा अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी स्पश्ट केले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी फुडल्या दसकाखातीर तीन प्राधान्यक्रमांची वळेरी हेवेळार दिली. संरचनात्मक सुधारणा, नवनिर्माणाक ऊर्बा दिवप आनी सोपे प्रशासन हांचो तातूंत आस्पाव आसा. सरकारच्या "रिफॉर्म एक्सप्रेस" चो लाव सामान्य नागरिकांक व्हडा प्रमाणात जाता अशेंय तांणी हेवेळार सांगले. ह्या वर्साचो केंद्रीय अर्थसंकल्प भारताच्या विकसित राष्ट्र जावपाच्या तळमळीचे प्रतिबिंब आसा. हो अर्थसंकल्प हो 'आता ना तर केन्नाच ना' असो खीण नासून तयारी आनी प्रेरणेतल्यान निर्माण जाल्लो 'आमी तयार आसात' असो खीण आसा अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी स्पश्ट केले.

Shah 81

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी नरेंद्र मोदी सरकाराची शेतकी समाजा कडेन आशिल्ली वचनबद्धतायेची पुष्टी केल्या, सगळ्या आंतरराष्ट्रीय वेपार करारांत शेतकार, गोरवां पोसपी, आनी नुस्तेकार हांचे हितसंबंद उरतले हाची खात्री केल्या. आयज गुजरातांतल्या गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत देशांतली पयली केंद्रीय बँक डिजिटल चलन (सीबीडीसी) आदारीत भौशीक वितरण पद्दत सुरू केल्या उपरांत ते उलयताले.

जयशंकर

भारत-मध्य उदेंत-युरोप अर्थीक मार्ग (आयएमईसी) जोडणी, रसद आनी वेपार सुनिश्चीत करपा खातीर आसा अशें  वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी सांगलें. म्यूनिक सुरक्षा परिशदेंत ते उलयताले हेवेळार उलयताना dr s जयशंकर हांणी सांगले... byte

गुजरात अर्थसंकल्पीय अधिवेशन - ५०

गुजरात विधानसभेचे अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयजसावन गांधीनगरात राज्यपाल आचार्य देवव्रत हांच्या औपचारिक अभिभाषणान सुरू  जातले. अर्थमंत्री कनुभाई देसाई १८ फेब्रुवारीक २०२६-२७ चो राज्याचो अर्थसंकल्प सादर करतले. २५ मार्चमेरेन चलतल्या ह्या अधिवेशनावेळार विधानसभेच्या नव्या उपसभापतींची लेगित निवड करतले. राज्याच्या आतंकवादआड कायद्यातल्या सुधारणांसयत हेर महत्त्वाची विधेयका अधिवेशनावेळार सादर जातली.

अस्तंत बंगाल - वेचणूक आयोग - ९०

वेचणूक आयोगान अस्तंत बंगालातल्या सात सहाय्यक वेचणूक नोंदणी अधिका-यांचेर अनियमिततेच्या आरोपावेल्यान शिस्तभंगाची कारवाय करपाचे आदेश दिल्यात. ह्या अधिकाऱ्यांमदी कॅनिंग पूर्वातल्या   दोन आनी सुती, मैनागुरी, शमशेरगंज, देबरा आनी फरक्का मतदारसंघातल्या दरेकी एका आधिका-याचो आस्पाव आसा. आयोगान राज्याच्यो मुखेल सचिव नंदिनी चक्रवर्ती हांका बरयल्ल्या पत्रात ह्या सात अधिकाऱ्यांचेर कारवाय करपाचे निर्देश दिल्यात.

एसआयआर प्रक्रियेत वाटेकार आशिल्ल्या ह्या अधिकाऱ्यांकडल्यान गंभीर गैरवर्तन, कर्तव्यात उणी आनी कायदेशीर अधिकाराचो गैरवापर केल्याचे पुरावे मेळ्ळयात अशें ह्या पत्रात स्पश्टपणान म्हळा.

मजगतीं, सर्वोच्च न्यायालयाच्या 9 फेब्रुवारीच्या निर्देशाक पाळो दिवन वेंचणूक आयोगान एसआयआर प्रक्रिये संबंदीत सगल्या हरकतींचो निवाडो करपा संबंदी खर संदेश जारी केला.

vaishnav

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आतां पयल्या दर्ज्याच्या कोचा बरोबर गाडयांचे सामान्य कोच निवळ करतले अशें जाहीर केलां. नवी दिल्लींत रेल्वे सुदारणां विशीं पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले- byte

वेचणूक आयोग आसाम भेट - ५०

आसामात ह्या वर्सा जावपी विधानसभा वेचणूकेच्या तयारीचो नियाळ घेवपाखातीर मुखेल वेचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणाखाला वेचणूक आयोग आयज गुवाहाटीक भेट दितले. वेचणूक आयुक्त एस.एस. संधू आनी विवेक जोशी हांचोय तातूंत आस्पाव आसा. तीन दिसांच्या हे भेटीवेळार, आयोग वरिष्ठ राज्य अधिकारी आनी वेगवेगळ्या राजकी पक्षांच्या प्रतिनिधींवांगडा सविस्तर बसका घेतले.

सहकार मंत्र्यांची बसका -

सहकार क्षेत्रातल्यो मुखेल सुधारणा आनी विस्तार येवजण्यांचो नियाळ घेवपाखातीर फाल्या मंगळारा गुजरातातल्या गांधीनगरात सगळी राज्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांतल्या सहकार मंत्र्यांची उंचेल्या पावंड्यावेली बसका जातली. हे येवजण्यांमदी देशभरात दोन लाख नव्या सहकारी संस्थांची थापणूक करपाचो प्रस्ताव आसा. केंद्रीय घर आबी सहकार मंत्री अमित शहा हांच्या अध्यक्षतायेखाला महात्मा मंदिर कन्व्हेन्शन सेंटर हांगा "मंथन बसका" जातली. देशभरातले सहकार मंत्री, अतिरिक्त मुखेल सचिव, प्रधान सचिव आनी सचिव अशें वरिष्ठ अधिकारी हेवेळार हाजीर रावपाची शक्यताय आसा.

हवामान -

हवामान खात्यान आयज अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर गडगड आनी खर वा-यांसयत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयांत आयज उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा. बंगालच्या खाडीच्या कांय वाठारांनी आनी ताचे लागसारच्या उदेंत हिंद म्हासागरांत वादळांची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.

फुडल्या 24 वरांत अस्तंत भारतांतल्या उण्यांत उण्या तापमानांत व्हडलोसो बदल जावचो ना अशें हवामान खात्यान सांगलां. फुडल्या तीन दिसांत वायव्य भारतांत उण्यांत उणें तापमान 2 ते 3 अंश सेल्सियस वाडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायला.

क्रिकेट - १३०

दादल्यांच्या आयसीसी टी-२० क्रिकेट वस्तादपण सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात भारतान पाकिस्तान पंगडाक ६१ धावंड्यानी हारोवन सुपर 8 फेरीयेत सुवात मेळयली. कोलंबोत पयली फलंदाजी करताना भारतान निर्धारित २० षटकांत ७ बाद १७५ धावंड्यो केल्यो. इशान किशनान बेसबरो खेळ करताना ७७ धावंड्यो केल्यो तर सूर्यकुमार यादवान ३२ धावंड्यो केल्यो. उपरांत पाकिस्तान पंगडाचो डाव १८ षटकांत ११४ धावंड्याचेर सोपलो. पाकिस्तानच्या उस्मान खान हांणे सगळ्यात चड ४४ धावंड्यो केल्यो. भारताच्या जसप्रीत बुमराह, अक्षर पटेल, वरुण चक्रवर्ती आनी हार्दिक पांड्या हांणी दरेकी दोन गडे बाद केले, तशेच कुलदीप यादव आनी तिलक वर्मा हांणी दरेकी एक गडे बाद केले. आयज दिल्लीत अफगाणिस्तान आनी संयुक्त अरब अमिराती पंगडामदी सकाळी ११:०० वरांचेर जातलो. कोलकातात इंग्लंड इटली पंगडा आड खेळतलो. हो खेळ दनपारा ३क जातलो, तशेच श्रीलंकेतल्या पल्लेकेलेत सांजे ७क ऑस्ट्रेलिया श्रीलंका पंगडा आड खेळतले.